## सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या उगडासाक आर्गां ओपपाक शोकसभेचे आयोजन

ता. 17 ऑक्टोबर 2025

सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या उगडासाक आर्गां ओपपाक गोंय सरकारान 19 ऑक्टोबर 2025 दिसा सकाळी 10.30 वराचेर कला अकादमीच्या सभाघरात शोकसभा आयोजीत केल्या. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत, महाराष्ट्राचे मुख्यमंत्री श्री. देवेंद्र फडणवीस, गोंयचे आदले मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री आनी मंत्री शोकसभेक उपस्थित रावतले. मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सर्गेस्त रवी नाईक हांच्या सगळ्या हितचिंतकांक शोकसभेक हजर रावपाचे आवाहन केला.

रवी सिताराम नाईक हांचो जल्म 18 सप्टेंबर 1946 दिसा फोंडा हांगा जालो. तांणी महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्ष, कॉंग्रेस आनी भारतीय जनता पक्षाच्या तिकेटीचेर वेंचणूक लडयली. तांणी मुख्यमंत्री, उपमुख्यमंत्री, मंत्री, खासदार आनी आमदार म्हूण गोंयच्या लोकांची सेवा केली.

2022 च्या विधानसभा वेंचणूकेत ते भाजपाच्या उमेदवारीचेर फोंडा मतदारसंघातल्यान वेंचून आयले. सध्याच्या मंत्रीमंडळात ते शेतकी, नागरी पुरवण मंत्री आशिल्लें. रवी नाईक हांका मंगळारा रातीं कडेन 79 वर्सां पिरायेचेर मरण आयलें.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/823

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.